**<u>पोटवेंचणूक जावपी ग्रामपंचायत वार्डांतली बारीं रातच्या 10.00 वरांउपरांत बंद दवरपाचो आदेश</u>**

ता. 10 मार्च 2023

गोंय राज्य वेंचणूक आयोगान उत्तर गोंयच्या दिवचल म्हालातल्या वेळगे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-5 आनी वनमांवळिंगे-कुडचीरे ग्रामपंचायतीचो वार्ड-6 खातीर 25 मार्च 2023 दिसा पोटवेंचणूक घेवपाचे जाहिर करून आचारसंहिता लागू केल्ली आसा.

ह्या फाटभुंयेर उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पोटवेंचणूक जाहिर जाल्ल्या आनी वेंचणूक आचारसंहिता लागू आशिल्ल्या ग्रामपंचायत वार्डांतली सगळीं सोऱ्याची बारीं, पब्स, क्लब्स, दुकांना, शॅक्स वा खंयचीय सोरो विक्री आस्थांपनां आचारसंहिता लागू आशिल्ल्या काळांत प्रत्येक दिसा रातच्या 10.00 वरां उपरांत बंद करपाचो आदेश जारी केला.

ह्या आदेशाचे उल्लंघन करपी आस्थापनांआड अबकारी खात्याच्या भरारी पंगडा कडल्यान कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/227

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.